मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत : 160

भौशिक बांधकाम खात्यात आसपाव आशील्लो पिवपाच्या उदकाचो विभाग खूरीत काड्न पिवपाच्या उदकाचो स्वतंत्र विभाग सरकार चालीक लायतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या. ते पर्वरे NH 66 रस्त्याचे उक्तावण तशेंच 1000 cubic meter उदकाच्या पम्पांचे बांधकामाचो बुनयादी फातर बसवपाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

सरकार उदकाचेर प्रक्रीया करपाक 20 रुपया प्रती cubic meter खर्च करता,मात गोंयकारांक 3 रूपया प्रती cubic meter ह्या दरान दीता.ताका लागुन सरकाराक 17 रूपयाचे एका cubic meter चे लुकसाण जाता.ते खातीर लोकांनी उदकाची नाशाडी करची न्ही अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान लोकांक केला.गोयांतल्या 40% नागरीकांक फुकट उदकाच्या येवजणेचो लाव मेळटा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

प्रत्येक घराब्याक 4 वरा उदक दीवपाची तजवीज सरकारान केल्या.तशेंच फुडल्या 25 वर्साची उदकाची गरज लक्षात दवरून उदकाची साठवणुक करपाक साधन सुविधा उबारप सुरू आशिल्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

ह्यावेळार पर्वरेचो आमदार तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी आदल्यो उपयोगाविणेच्यो बांय उदकाची साठवणुक करपाक वापरतले अशी म्हायती दील्या.हे शिवाय सध्या पर्वरे 8-9 जमनीपोंदा तशेच वयर उदकाच्यो टाकयो बांदपाचे काम सुरू आशील्याची म्हायती खंवटे हांणी दील्या.

कोयराची समस्या : 195

राज्यांतली कोयराची समस्या सोडोवपा खातीर पंचायत मंडळांनी अदीक सक्रिय जावपाची गरज आसा. पंचायत मंडळांनी गांवच्या लोकांच्या सहकार्यान आपल्या वाठारांतल्या कोयराचो प्रस्न सोडोवपाक आवश्यक उपाय करपाक जाय, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज मये मतदारसंघात पाच म्हत्वाच्या प्रकल्पाचो बुन्यादी फातर बसयले उपरांत उलयतना सांगलें.

योग्य आनी नियोजीत पद्दतीन कोयराचो व्हिलो लावन गांवचो वाठार नितळ आनी हरीत दवरून निरोगी पर्यावरण राखपा खातीर गांवच्या लोकांनीय हातभार लावपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. कृशी धोरणाचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान सरकार शेतकारांच्या कल्याणा खातीर काम करता अशें सांगून शेतकारांनी कृशी लागवड वाडोवपाचो उलो मारलो. सरकार शेतकारांच्या फायद्या खातीर अनेक अनुदान येवजण्यांची अंमलबजावणी करता, तशेंच सेंद्रीय कृशी लागवडीक प्रोत्साहन दिता, अशें सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान आयज मये आनी मावळींगे-कुडचीरे वाठारांत भुंयगत वीज केबल घालपाच्या कामाची सुरवात केली. तशेंच मये हांगा तळ्याची सुदारणा, वायंगिणी मये हांगा खाजन बांद आनी मानशेच्या गेटीची दुरूस्ती आनी श्री विठ्ठल मंदीराच्या सुशोभिकरण कामाची सुरवात केली.

मये मतदारसंघाचें आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट हांणी सरकार शेतकारांच्या कल्याणा खातीर अनेक येवजण्यांची अंमलबजावणी करता अशें सांगून शेतकारांनी अशां येवजण्यांचो लाव घेवन आपली शेत जमीन लागवडी खाला हाडपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचें अध्यक्ष श्री. शंकर चोडणकर, जिल्हा पंचायत सदस्य महेश सावंत, मये मतदारसंघातल्या ग्रामपंचायतीचें सरपंच आनी पंच वांगडी उपस्थित आशिल्लें.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत : 160

भौशिक बांधकाम खात्यात आसपाव आशील्लो पिवपाच्या उदकाचो विभाग खूरीत काडुन पिवपाच्या उदकाचो स्वतंत्र विभाग सरकार चालीक लायतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या. ते पर्वरे NH 66 रस्त्याचे उक्तावण तशेंच 1000 cubic meter उदकाच्या पम्पांचे बांधकामाचो बुनयादी फातर बसवपाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

सरकार उदकाचेर प्रक्रीया करपाक 20 रुपया प्रती cubic meter खर्च करता,मात गोंयकारांक 3 रूपया प्रती cubic meter ह्या दरान दीता.ताका लागुन सरकाराक 17 रूपयाचे एका cubic meter चे लुकसाण जाता.ते खातीर लोकांनी उदकाची नाशाडी करची न्ही अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान लोकांक केला.गोयांतल्या 40% नागरीकांक फुकट उदकाच्या येवजणेचो लाव मेळटा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

प्रत्येक घराब्याक 4 वरा उदक दीवपाची तजवीज सरकारान केल्या.तशेंच फुडल्या 25 वर्साची उदकाची गरज लक्षात दवरून उदकाची साठवणुक करपाक साधन सुविधा उबारप सुरू आशिल्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

ह्यावेळार पर्वरेचो आमदार तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी आदल्यो उपयोगाविणेच्यो बांय उदकाची साठवणुक करपाक वापरतले अशी म्हायती दील्या.हे शिवाय सध्या पर्वरे 8-9 जमनीपोंदा तशेच वयर उदकाच्यो टाकयो बांदपाचे काम सुरू आशील्याची म्हायती खंवटे हांणी दील्या.

मडगाव: 80

मुंगुल-मडगाव ह्या वाठारात मडगाव कोमुनिदादीच्या मालकीच्या जमिनीत उबारिल्ली सुमार २५ बेकायदेशीर बांदकामा आयज दक्षिण गोवा जिल्हा प्रशासनान मोडून उडयली. ह्यावेळार मोट्या प्रमाणात पोलीस बंदोबस्त दवरिल्लो. मडगाव कोमुनिदादीचे प्रशासकांच्या उपस्थितीत आयज ही कारवाय जाली. ह्या बेकायदेशीर बांदकामाआड मडगाव कोमुनिदादीन २०१५ वर्सा कागाळ केल्ली. २०१७ वर्सा ही बांदकामां मोडून उडोवपाचो आदेश दिल्लो. मात कांय कारणाक लागून ही कारवाय अडून उरिल्ली. मात आयज ही कारवाय जाली अशी म्हायती मडगाव कोमुनिदादीचे ॲटर्नी

सेलेस्टीन नोरोन्हा हांणी दिली. ही कारवाय करपाखातीर दक्षिण गोंयचे जिल्हाधिकारी ॲग्ना क्लिटस हांचो पाठिंबो मेळ्ळो अशें तांणी सांगलें.

75

उत्तर गोंय आपत्ती वेवस्थापन यंत्रणां, नॅशनल डिजास्टर रिस्पॉन्स फोर्स 5 बीएन, पुणे आनी हेर यंत्रणांच्या सहकार्यान आयज पणजे फेरी धक्क्याचेर चक्रीवादळ आनी हुंवाराच्या प्रसंगार करपाच्या आपत्ती वेवस्थापन आनी उपायांचो सराव जालो.

एनडीआरएफ जवानांनी आपत्तीच्या वेळार अडचणीत सापडिल्ल्या लोकांक वाचोवपा खातीर करपाचें उपाय, तत्काळ उपचार आनी हेर तंत्राविशींचो सराव केलो.

उपजिल्हाधिकारी श्री. सुयश खांडेपारकर, एनडीआरएफ चे उपकमांडण्ट श्री. प्रमोद कुमार, मामलेदार कौशीक देसाय, एनडीआरएफ चे निरीक्षक विजय कुमार, अजय कुमार यादव आनी हेर सरकारी खात्यांच्या अधिकाऱ्यांनी सरावात वाटो घेतलो.

149

महाकुंभ दर्शन घेवपाक गोंयच्या भावीकांक व्हरपाखातीर मुखेलमंत्री देव दर्शन यात्रेवरवी वचपी दुसरी ट्रेन फाल्या म्हणल्यारूच 13 फेब्रेराक सांजेच्या 4 वराचेरर मडगाव रेल्वे स्टेशनावेल्यान सुटल्ली,जाल्यार 15 फेब्रेराक ती प्र यागराज पावतली,आनी दर्शन जाल्या उपरांत भावीक 18 फेब्रेराक गोंयात पावतली अशी म्हायती समाज कल्याण खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी दील्या. मडगावा उपरांत करमळे तशेच थिवी रेल्वे स्टेशनाचेर ही ट्रेन भाविकांक घेवपाक स्टोप घेतली अशी म्हायती तांणी पत्रकार परीशदेत दील्या.

ह्या ट्रेनीत 1300 परस चड यात्रीक महाकुंभ दर्शन घेवपाक वतले . हे शिवाय 21 फेब्रेराक आनीक एक ट्रेन गोयांतल्यान भाविकांक घेवन महाकुंभाक वतली.

6th feb 1191 भाविकांक घेवन गेल्ली .जाल्यार ह्या यात्रेखातीर आजुमेरेन 3 ट्रेनी सरकारान सोडल्यात.हे शिवाय आनीक ट्रेनी सोडपाचो यत्ज्ञ सरकार शकता अशी म्हायती मंत्र्यान दील्या.

भाविकांनी चड सामान घेवन वच्चे न्ही.गरजेपुरतीच कपडे आनी सामान व्हरचे.तशेच नोंदणी करून जांचे वचपाचे निश्चीत जांवक ना,म्हणल्यारूच जांका टीकीट करफरमेशन मेसेज येवक ना तांका फुडल्या खेपेच्या ट्रेनीन दर्शनाक वरतले अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्र्यान दील्या.

राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण : 70

भारतीय पत्रकांर संघ, नवी दिल्ली हांणी कर्नाटक पत्रकांर संघ आनी गोंय पत्रकांर संघाच्या सहकार्यान 13 ते 15 फेब्रुवारी 2025 मजगती कोलमार बीच रिसॉर्ट, कोलवा हांगा राष्ट्रीय कार्यकारी समितीची बसका आनी राष्ट्रीय परिशदेचें आयोजन केला.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं 14 फेब्रुवारी 2025 दिसा सकाळी 10.00 वराचेर राष्ट्रीय कार्यकारी समितीची बसका आनी राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण जातले. कर्नाटक विधानसभेचें सभापती श्री. यु. टी. खादर फरीद हे ह्या वेळार मानाचे सोयरे आसतले.

वास्को - 125

मुरगांव बंदरान आयात जावपी मालाची येरादारी करपाचें कोत्राद थाळाव्या ट्रक धनयांक दिवपाची मागणी अखिल गोंय ट्रक आनी लॉरी संघटनेन केल्या.

वास्को हांगा ह्यासंबंदान आपल्यो मागण्यो राज्य सरकाराकडे मांडपा खातीर घेतील्ल्या पत्रकार परिषदेत उलयताना संघटनेचे मुखेली श्रीकांत च्यारी हाणें म्हळा, की कितल्याशाच वर्सांनी मुरगांव बंदरान सध्या वुडन चीप्साची बोट आयल्या. तो सध्या गोंयच्यान दांडेली हांगसल्ल्या फॅक्टरीन वता. पयली ही येरादारी थाळाव्या ट्रकांनी जाताली. आता ती गोयां भायल्या ट्रकांनी जाता. हाका लागून फाटल्या कांय वर्सां सांवन मुरगांव बंदरातल्यान मालाची येरादारी करून पोट भरतल्या ट्रक धनयांमुखार आता तांच्या फुडाराचो प्रस्न उप्रासला. प्रत्येक धंद्यान थाळाव्याक प्राधान्य दिवपाची भाषा उलोवपी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणें हातुंत बेगितल्या बेगीना लक्ष घालून थाळाव्या ट्रक धनयांक न्याय दिवपाची मागणी संघटनेचे मुखेली श्रीकांत च्यारी हाणें केल्या. ह्यावेळार वासिम शेख आनी साजीद हांची उलोपा जाली.